**लिंगीक आगळीक तपास विशयाचेर कार्यशाळेचें आयोजन**

29 नोव्हेंबर 2023

नॅशनल फॉरेन्सिक सायन्सीस युनिव्हर्सिटी, गोंय हांणी आपल्या फोंडा हांगाच्या कॅम्पसात 6 डिसेंबर दिसा "लिंगीक आगळीक तपास" ह्या विशयाचेर एका दिसाच्या कार्यशाळेचें आयोजन केला. ह्या कार्यशाळेत लिंगीक आगळीक प्रकरणातल्या क्रूरतायेविशीं तपासाखातीर संबंदीत तपास यंत्रणांचो समन्वय ह्या विशयाचेर भर आसतलो. युके तल्या  कॅन्ट विद्‌यापिठाचे प्रो. रॉबर्ट ग्रीन हे कार्यशाळेत मार्गदर्शन करतना अशां प्रकरणांतलो तपास आनी आव्हानांविशीं आपलो अणभव सांगतलें.

लिंगीक आगळीक प्रकरणांच्या मळार काम करपी पुलीस यंत्रणां, न्यायालयीन यंत्रणां, भलायकी सुविधा दिवपी, वेवसायिक आनी ह्या क्षेत्रात काम करपी हेरांक तपास पद्‌दतीविशीं दिवप-घेवप करपाक ह्या कार्यशाळेचो फायदो जातलो. कार्यशाळेत सहभागी जावपा खातीर विद्‌यापिठाच्या कार्यालयात संपर्क करचो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/914

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan, Panaji – Goa.